<u>प्रादेशिक खबरो</u>

Date :18/02/2026 7.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

आयुश मळार संशोधन, सहकार आनी भलायकीपर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपाक गोंय सरकार बंदील आसा अशें मुख्यमंत्री सावंत हांणी सांगलें.

पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला मडगाव हांगा कुशलताय उदरगत आनी सुविधा केंद्र स्थापन करपाचो प्रयत्न चालू आसा अशी माहिती भौषिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हाणी दिली.

पांचवी गोंय दर्यावेली परिशद शेनवारा 21 नोव्हेंबराक बेतीवेरेच्या नेव्हल वॉर कॉलेजींत जातली.

दिवचलच्या सरकारी पॉलिटेक्निक महाविद्यालयान सिमेंस एनर्जी इंडिया लिमिटेडच्या सांगतान एक समजीकायेची कबलात केला.

शिवजयंती नीमतान फाल्या गोंयात तरेकवार कार्यवळीचें आयोजन केला राज्यपाव्न्ड्यावेलो शिवजयंती सुवाळो दिवचल हांगसर आयोजित केला.

आता पुराय खबरो

100/ १७०

आयुश मळार संशोधन, सहकार आनी भलायकीपर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपाक गोंय सरकार बंदील आसा अशें मुख्यमंत्री सावंत हांणी सांगलें आयुर्वेदीक उपचार पद्दती ही फकत पारंपरीक उपचार पद्दत न्हंय जाल्यार दुयेसाक प्रतिबंद करपा सयत उपचार करपाखातीरची ती एक प्रभावी पद्दत आसा. हे पद्दतीचो हे फुडें आनीक विस्तार जातलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. अबु धाबी हांगा आयुश परिशदेंत ते उलयताले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे फुडारपणा खाला देशांत आयुर्वेदिक उपचार पद्दतीचो विस्तार जायत आसा. गोंयांत उपचारां सयत आयुर्वेद उपचार पद्दतीचेर संशोधन सुरू आसा, अशें ताणी सांगलें. आयुश उपचारांचो अणभव घेवपा खातीर संवसारभरांतल्या पर्यटकांक आकर्शीत करपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशी म्हायती ताणी दील्या.

२००

पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला मडगाव हांगा कुशलताय उदरगत आनी सुविधा केंद्र स्थापन करपाचो प्रयत्न चालू आसा अशी माहिती भौषिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हाणी दिली. मडगावा पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला राज्य पांवड्यावेल्या प्रदर्शन आनी वेपार

मेळाव्याचें उक्तावण आयज फातोर्डाच्या एसजीपीडीए मैदानार जालें. ह्या वेळार ते मुखेल सोयरो म्हूण हाजीर आशिल्ले. देशा वांगडाच गोंयच्या कारागिरांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी प्रधानमंत्री विश्वकर्मा येवजण चालीक लायल्या अशें ताणी सांगलें. दरजी, सुतार, प्लंबर ह्या वाठारांत काम करपी लोकांनी हे येवजणेचो फायदो घेवचो अशें आवाहन तांणी केलें. प्रधानमंत्री मोदी हे कुशळटाय उदरगतिक प्राधान्य दितात तशेच गोंयांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हेय कुशळटाय उदरगती खातीर यत्न करतात. उत्तर गोंयांत ताणें कुशळटाय विकास केंद्र सुरू केलां. दक्षिण गोंयांत मडगाव हांगा अशें केंद्र सुरू करपाचो यत्न आपूण करतां अशें मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलें . ताचे खातीर मुख्यमंत्र्यानीय मान्यताय दिल्या अशी माहिती ताणी दिली. गोंयांत 30 ते 40 हजार लोकांनी हे येवजणे खातीर अर्ज केल्ले. पूण प्रत्यक्षांत खूब उणे कारागिर मुखार आयले. कश्ट करपाक तयार आशिल्ल्यांक हे येवजणेचो फायदो निश्चीतपणान मेळूं येता अशें तांणी सांगलें. हें प्रदर्शन आनी वेपार मेळावो सकाळीं 10 ते रातीं 8 मेरेन 22 फेब्रुवारी मेरेन उक्तो आसतले अशी माहिती ह्यावेळार दिली. ह्या वेळार गोंय बायलां आयोगाची अध्यक्ष रंजिता पै, केंद्र संचालक सगुण वेळीप आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

जाण 80

गोंय शालांत मंडळान केंद्रीय तंत्रीक शिक्षण संस्थेच्या पालवान राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षकां खातीर रोबोटीक्स आनी 'कृत्रीम बुद्धीमत्तेचो शिक्षणात उपेग ' ह्या विशयाचेर ऑनलायन प्रशिक्षण कार्यावळ आंखल्या. ही प्रशिक्षण कार्यावळ २४ फेबुवारी मेरेन चालू उरतली. फाल्या १९ तारखेर - डीमिस्टीफाईंग आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स , २३फेब्रुवारी - फंडामेंटल ऑफ रोबोटिक्स आनी २४फेब्रुवारी दिसा - एआय इन एव्हरीडे लाइफ अशें वेगवेगळ्या विषयाची शिक्षकांक म्हायती दितले. माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक संगणक शिक्षकांनी तशेंच हेर विषयांच्या शिक्षकांनी ह्या ऑनलाइन कार्यशाळेत सहभागी जावंच अशें आवाहन गोंय शालांत मंडळान केलां .

115

पांचवी गोंय दर्यावेली परिशद शेनवारा (21) बेतीवेरेच्या नौदल झुजा महाविद्यालयात जातली. गोंयच्या नौदल झुजा महाविद्यालयाचे कमांडंट रियर एडमिरल अर्जुन देव नायर हांणी हे विशी म्हायती प्रसार माध्यमांक दिली .bytes 30 sec संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हे परिशदेचो मुखेल सोयरो आसतले .जाल्यार नौदलाचो मुखेली एडमिरल दिनेश त्रिपाठी ह्या परिशदेची

येजमानकी चलयतले.हि परिशद हिंद म्हासागराच्या वाठारांतल्या सादारण दर्यावेल्या सुरक्षा आव्हानांचेर आनी उदयाक येवपी आनी गतीशील धोके उणे करपाचे मार्गांचेर भर दिता.

राजेश ८५

दिवचलच्या सरकारी तंत्रनिकेतन महाविद्यालयान सिमेंस एनर्जी इंडिया लिमिटेड च्या सांगतान एक समजीकायेची कबलात केला. जेवर्वी महाविद्यालयाच्या उत्तर गोंय कॅम्पसात सीमेंस टेक्नॉलॉजी सेंटर स्थापन करतले . सीमेस एनर्जीच्या कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी योजनेखाला जावपी हो प्रकल्प राज्यातल्या हेर शासकीय पॉलीटेक्निक तूळेन पयलें टेक्नॉलॉजी सेंटर थारतलें. या उपक्रमाचो मुख्य उद्देश मेकॅनिकल, सिविल, इलेक्ट्रिकल आणि इलेक्ट्रॉनिक्स अभियांत्रिकी शाखेतल्या डिप्लोमा विद्यार्थ्यांखातीर उद्योगाकडे सलग्न कौशल्य विकास चड बळकट करप हो आसा .तीन वर्षांच्या या करारानुसार सीमेंस एनर्जी प्रगत प्रशिक्षण सुविधा ,आधुनिक उपकरणा, तांत्रिक तज्ञांचे मार्गदर्शन तशेच समर्पित प्रशिक्षक उपलब्ध करून दितले

साखळी मतदारसंघातल्या बेताळवाडी आमोणेच्या मुळाव्या शाळा पालक शिक्षण संघन आणि शाळा व्यवस्थापन समितीन शाळेच्या मुख्य प्रवेशद्वाराकडे उभारिल्या छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याचे लोकार्पण फाल्यां 19 फेब्रुवारीक सकाळी नऊ वरांचेर जातले .या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हुण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत, पद्मिनी फाउंडेशन अध्यक्ष , सरकारी माध्यमिक विद्यालयाचे मुख्याध्यापक डॉक्टर उल्हास गावकर ,पालक शिक्षक संघाचे अध्यक्ष रामदास सावंत आनी मुख्याध्यापिका रविता फडते हजर आसतले.

८५

गोंय पर्यटन खातें, माहिती आणि प्रसिद्धी खाते गोंय सरकार, दिवचल नगरपालिका आनी शिक्षा विजन दिवचल ह्यांच्या जोडपालवान फाल्यां 19 फेब्रुवारी 2026 या दिसा दिवचल हांगसर राज्यस्तरीय सरकारी शिवजयंती सुवाळो आयोजित केला .ह्या वेळार दीसभर विंगड विंगड कार्यावळी आयोजित केल्यात. मुखेल कार्यावळ सांजे साडेसात वारांचेर जातली. या सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ,पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे,कला आनी संस्कृतिमंत्री रमेश तवडकर, दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर आनी हेर मानेस्त हजर आसतले. हेच कार्यावळीत महाराष्ट्राची लोकधारा ही सांस्कृतिक कार्यावळ जातली.

50

दिवचल मालातल्या आनी साखळी मतदारसंघातल्या कुडणे ग्रामपंचायतीचे नवे सरपंच म्हुण दामोदर उर्फ दामू पेटकर हांची बिनविरोध निवड जाल्या .आदले सरपंच राजन फाळकर हाणीं सामंजस्य करारानुसार दिल्या राजीनाम्या उतरांत सरपंच पदाची सुवात रीती आसली.या पदाखातीर दामोदर पेटकर हांची बिनविरोध निवड जाल्या.

65

छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जयंती निमतान फाल्यां १९ फेब्रुवारी २०२६ दिसा सांखळेत तरेकवार सांस्कृतिक कार्यक्रमाचें आयोजन केला.

हे निमतान भव्य बाईक रॅली जातली. नेवेली जंक्शन हांगासर

सांजवेळ 4 वरांचेर रेली सुरू जातली.तेंचप्रमाण विंगड विंगड सांस्कृतिक कार्यावळी जातल्यो.या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हुण मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, नगराध्यक्ष सीद्धी प्रभू ,विंगड विंगड पंचायतींचें सरपंच हजर आसतले.सगळ्यांनी व्हडा संख्येन उपस्थित रावन शिवजयंती उत्सव उत्साहान साजरो करपाखातीर सहकार्य करचें अशें आवाहन आयोजन समीतीन केला.

50

बोरयेच्या स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयान, हालींच "कामाचेर वागणूक: बरें, आनीवायट" ह्या विशयाचेर एक संवादात्मक सत्र घडोवन हाडले. म्हाविद्यालयाच्या अंतर्गत गुणवत्ता आश्वासन सेल (आयक्यूएसी) आनी अंतर्गत कागाळ समितीन (आयसीसी) संयुक्तपणान ही कार्यावळ घडोवन हाडली. खंडोळाच्या सरकारी म्हाविद्यालयाची उप प्राचार्य प्रा.डॉ.सीमा सालगावकर आनी नामनेचो फ्रीलान्स प्रशिक्षक डॉ. प्रदीप साळगावकर हानी या विषयाचे मार्गदर्शन केले.

60

शिरोडा सरकारी मुळावी शाळा केंद्र बाजार, शिरोडा हांणी विद्यार्थ्यां मदीं वेव्हारीक गिन्यान, उद्देजकता आनी आत्मविस्वास वाडोवपाच्या हेतान 'बाजार दीस' उपक्रम आयोजीत केलो. ह्या उपक्रमाचें उक्तावण थळावी पंच रेशमा नायक हांणी केलें. ह्या निमतान गोंय राज्याचे उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर हाजीर आशिल्ले.

ह्या उपक्रमाक लागून विद्यार्थ्यां मदीं आत्मनिर्भरता, संघटनात्मक भावना आनी अर्थीक साक्षरतायेची भावना वाडल्या अशें शाळेच्या शिक्षकांनी सांगलें.

हवामान 45

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३.८ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.५ औंश  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.6 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.४ औंश  सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

आयुश मळार संशोधन, सहकार आनी भलायकीपर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपाक गोंय सरकार बंदील आसा अशें मुख्यमंत्री सावंत हांणी सांगलें.

पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला मडगाव हांगा कुशलताय उदरगत आनी सुविधा केंद्र स्थापन करपाचो प्रयत्न चालू आसा अशी माहिती भौषिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हाणी दिली.

पांचवी गोंय दर्यावेली परिशद शेनवारा 21 नोव्हेंबराक बेतीवेरेच्या नेव्हल वॉर कॉलेजींत जातली. दिवचलच्या सरकारी पॉलिटेक्निक महाविद्यालयान सिमेंस एनर्जी इंडिया लिमिटेडच्या सांगतान एक समजीकायेची कबलात केला.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार